# PAPER-II
# KONKANI

**Signature and Name of Invigilator**

1. (Signature) ____________________
   (Name) ____________________
2. (Signature) ____________________
   (Name) ____________________

OMR Sheet No. : ..........................................
(To be filled by the Candidate)

Roll No. | | | | | | | | |
(In figures as per admission card)

Roll No.____________________
(In words)

**D 8 5 1 2**

Time : **1 $^1/_4$** hours] [Maximum Marks : **100**

Number of Pages in this Booklet : **8** Number of Questions in this Booklet : **50**

## Instructions for the Candidates

1. Write your roll number in the space provided on the top of this page.
2. This paper consists of fifty multiple-choice type of questions.
3. At the commencement of examination, the question booklet will be given to you. In the first 5 minutes, you are requested to open the booklet and compulsorily examine it as below :
   (i) To have access to the Question Booklet, tear off the paper seal on the edge of this cover page. Do not accept a booklet without sticker-seal and do not accept an open booklet.
   (ii) **Tally the number of pages and number of questions in the booklet with the information printed on the cover page. Faulty booklets due to pages/questions missing or duplicate or not in serial order or any other discrepancy should be got replaced immediately by a correct booklet from the invigilator within the period of 5 minutes. Afterwards, neither the Question Booklet will be replaced nor any extra time will be given.**
   (iii) After this verification is over, the OMR Sheet Number should be entered on this Test Booklet.
4. Each item has four alternative responses marked (A), (B), (C) and (D). You have to darken the circle as indicated below on the correct response against each item.
   **Example :** (A) (B) ● (D)
   where (C) is the correct response.
5. Your responses to the items are to be indicated in the **OMR Sheet given inside the Paper I Booklet only.** If you mark at any place other than in the circle in the OMR Sheet, it will not be evaluated.
6. Read instructions given inside carefully.
7. Rough Work is to be done in the end of this booklet.
8. If you write your Name, Roll Number, Phone Number or put any mark on any part of the OMR Sheet, except for the space allotted for the relevant entries, which may disclose your identity, or use abusive language or employ any other unfair means, you will render yourself liable to disqualification.
9. You have to return the test question booklet and Original OMR Sheet to the invigilators at the end of the examination compulsorily and must not carry it with you outside the Examination Hall. You are, however, allowed to carry duplicate copy of OMR Sheet on conclusion of examination.
10. **Use only Blue/Black Ball point pen.**
11. **Use of any calculator or log table etc., is prohibited.**
12. **There is no negative marks for incorrect answers.**

## परीक्षार्थियों के लिए निर्देश

1. पहले पृष्ठ के ऊपर नियत स्थान पर अपना रोल नम्बर लिखिए ।
2. इस प्रश्न-पत्र में पचास बहुविकल्पीय प्रश्न हैं ।
3. परीक्षा प्रारम्भ होने पर, प्रश्न-पुस्तिका आपको दे दी जायेगी । पहले पाँच मिनट आपको प्रश्न-पुस्तिका खोलने तथा उसकी निम्नलिखित जाँच के लिए दिये जायेंगे, जिसकी जाँच आपको अवश्य करनी है :
   (i) प्रश्न-पुस्तिका खोलने के लिए उसके कवर पेज पर लगी कागज की सील को फाड़ लें । खुली हुई या बिना स्टीकर-सील की पुस्तिका स्वीकार न करें ।
   (ii) **कवर पृष्ठ पर छपे निर्देशानुसार प्रश्न-पुस्तिका के पृष्ठ तथा प्रश्नों की संख्या को अच्छी तरह चैक कर लें कि ये पूरे हैं । दोषपूर्ण पुस्तिका जिनमें पृष्ठ/प्रश्न कम हों या दुबारा आ गये हों या सीरियल में न हों अर्थात् किसी भी प्रकार की त्रुटिपूर्ण पुस्तिका स्वीकार न करें तथा उसी समय उसे लौटाकर उसके स्थान पर दूसरी सही प्रश्न-पुस्तिका ले लें । इसके लिए आपको पाँच मिनट दिये जायेंगे । उसके बाद न तो आपकी प्रश्न-पुस्तिका वापस ली जायेगी और न ही आपको अतिरिक्त समय दिया जायेगा ।**
   (iii) इस जाँच के बाद OMR पत्रक की क्रम संख्या इस प्रश्न-पुस्तिका पर अंकित कर दें ।
4. प्रत्येक प्रश्न के लिए चार उत्तर विकल्प (A), (B), (C) तथा (D) दिये गये हैं । आपको सही उत्तर के वृत्त को पेन से भरकर काला करना है जैसा कि नीचे दिखाया गया है ।
   **उदाहरण** : (A) (B) ● (D)
   जबकि (C) सही उत्तर है ।
5. प्रश्नों के उत्तर **केवल प्रश्न पत्र I के अन्दर दिये गये OMR पत्रक पर ही** अंकित करने हैं । यदि आप OMR पत्रक पर दिये गये वृत्त के अलावा किसी अन्य स्थान पर उत्तर चिह्नांकित करते हैं, तो उसका मूल्यांकन नहीं होगा ।
6. अन्दर दिये गये निर्देशों को ध्यानपूर्वक पढ़ें ।
7. कच्चा काम (Rough Work) इस पुस्तिका के अन्तिम पृष्ठ पर करें ।
8. यदि आप OMR पत्रक पर नियत स्थान के अलावा अपना नाम, रोल नम्बर, फोन नम्बर या कोई भी ऐसा चिह्न जिससे आपकी पहचान हो सके, अंकित करते हैं अथवा अभद्र भाषा का प्रयोग करते हैं, या कोई अन्य अनुचित साधन का प्रयोग करते हैं, तो परीक्षा के लिये अयोग्य घोषित किये जा सकते हैं ।
9. आपको परीक्षा समाप्त होने पर प्रश्न-पुस्तिका एवं मूल OMR पत्रक निरीक्षक महोदय को लौटाना आवश्यक है और परीक्षा समाप्ति के बाद उसे अपने साथ परीक्षा भवन से बाहर न लेकर जायें । हालांकि आप परीक्षा समाप्ति पर OMR पत्रक की डुप्लीकेट प्रति अपने साथ ले जा सकते हैं ।
10. **केवल नीले/काले बाल प्वाईंट पेन का ही इस्तेमाल करें ।**
11. **किसी भी प्रकार का संगणक (कैलकुलेटर) या लाग टेबल आदि का प्रयोग वर्जित है ।**
12. **गलत उत्तरों के लिए कोई अंक काटे नहीं जाएँगे ।**

**KONKANI**
**कोंकणी**
**Paper – II**
**प्रश्नपत्र – II**

**Note :** This paper contains **fifty (50)** objective type questions, each question carrying **two (2)** marks. Attempt **all** the questions.

**सुचोवण्यो :** (i) ह्या प्रस्न-पत्रांत वट्ट **पन्नास (50)** भौ पर्यायी जापेचे प्रस्न आसात.
(ii) दर एका प्रस्नाची जाप ताचे कुशीक दिल्ल्या (A), (B), (C), (D) ह्या चार अक्षरांतल्या फावो त्या अक्षरान दिवंची.
(iii) दर प्रस्नाच्या सारके जापेक **दोन (2)** गुण दवरल्यात
(iv) **सगळ्या** प्रस्नांच्यो जापो दिवंच्यो.

**1.** १९ व्या शतमानांतल्या कोंकणी व्याकरणाचो मुळावो मसुदो तयार करपी हांतलो कोण ?
(A) मारयान सालदान्य
(B) आंद्रे वाझ
(C) आमादेर द सांत आना
(D) विलियम केरी

**2.** 'जपुजी साहेब' ह्या ग्रंथाचो कोंकणी अणकार हांतल्या कोणे केलां ?
(A) सुरेश आमोणकार
(B) प्रकाश थळी
(C) किरण बुडकुले
(D) नागेश करमली

**3.** अंदू वर्सा म्हळ्यार २०१० इसवींत हांतल्या कोणाच्यो जल्मशताब्दी गोंय राज्यान मनयल्यो ?
i. धर्मानंद कोसंबी
ii. दामोदर धर्मानंद कोसंबी
iii. पांडुरंग पिसुर्लेकार
iv. दयानंद बांदोडकार
(A) i आनी iv
(B) i आनी iii
(C) ii आनी iv
(D) iii आनी ii

**4.** 'श्रवोण' हें लोकगीत हांतल्या कोणे संपादित केलां ?
(A) एन्. पुरूशोत्तम मल्ल्या
(B) पी.जी. कामत
(C) शिवानन्द शणै
(D) गोकुळदास प्रभु

**5.** कवी आनी तांच्या कवितेच्यो वळी हांच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

| | |
|---|---|
| १. हे निळे निळशे धुंवरे पेल्यान / दिसभर लागता थंयसर ध्यान | ५. माधव बोरकार |
| २. तीं ल्हारां दर्यादेगेर फुलां जावन फुट्टात तीं ल्हारां मळबाचेर कुपां जावन धोलतात. | ६. ओलिव्हिन्यु गॉमिश |
| ३. सपना व्हडें जिणे ल्हारां चिरीत-चिरीत हावेसाचो चलता रस्तो वाट सोदीत-सोदीत | ७. अभिजित |
| ४. जितलो जालो गिन्यानी तितलो मनीस खालती ल्हान | ८. जेस्. फँर्नांदिश |
| | ९. राजय पवार |

(A) १-६ २-५ ३-७ ४-९
(B) १-५ २-६ ३-९ ४-७
(C) १-७ २-५ ३-८ ४-६
(D) १-८ २-५ ३-७ ४-६

**6.** 'तिचे मरणाउप्रांत' हे रोमी लिपयेंतल्या कादंबरीचो बरोवपी हांतलो कोण ?
(A) बोवेन्तुर पियात्रु
(B) रोमिओ आल्मैदा
(C) ओलिविन्यु गॉमिश
(D) मैथ्यू आल्मैदा

7. ‘वणटी’ तल्या बरपाचो खंयच्या साहित्यप्रकारांत आसपाव जाता ?
(A) निबंद
(B) कथा
(C) कादंबरी
(D) अणकारित साहित्य

8. सकयल दिल्ली खंयची संज्ञा काव्य प्रकाराखातीर आपणाय नात ?
(A) खण्डकाव्य (B) भावगीत
(C) मुक्तछंद (D) विलापिका

9. साहित्य अकादमीचो पयलो-वयलो भुरग्यांसाहित्याचो पुरस्कार कोंकणीतल्या खंयच्या पुस्तकाक आनी बरप्याक मेळ्ळा ?
(A) माया खरंगटे – सिंड्रेला
(B) प्रकाश पर्येकार - इगडी बिगडी तिगडी था
(C) एन. शिवदास - बाबू
(D) अभयकुमार वेलिंगकार - पिसाय

10. ‘उपमेय हेंच उपमान आसा’ अशें ज्या अलंकारांत दाखयतात / मानतात त्या अलंकाराचें नांव _____
(A) निश्चय अलंकार अशें आसा.
(B) संदेह अलंकार अशें आसा.
(C) रूपक अलंकार अशें आसा.
(D) उत्प्रेक्षा अलंकार अशें आसा.

11. गोंय विद्यापीठाच्या कोंकणी विभागाचो पयलो विभाग मुखेली हांतलो कोण ?
(A) दो. पद्माकर दुभाषी
(B) दो. ओलिविन्यु गॉमिश
(C) दो. मनोहरराय सरदेसाय
(D) दो. काशिनाथ महाले

12. ‘पनवार’ हें बरप कसल्या स्वरूपाचें आसा ?
(A) ललित निबंदाची प्रस्तावना
(B) साहित्य समीक्षणाचो आढावो
(C) नाटकाच्या पुस्तकाचें रसग्रहण
(D) कविता संग्रहाची प्रस्तावना

13. हांतली खंयची वाक्यां बरोबर आसात ?
(१) ‘अजीब पुरातली कल्पकथा’ हें लोकांकाणयांचे संकलन
(२) कोंकणीक राजमान्यताय लोकांचळवळीक लागून मेळ्ळी.
(३) कोंकणी कवितेन जायते नवे घाट घेतल्यात ते हेर भासांचे अनुकरण करपाखातीर.
(४) कथा आनी नवलिकेतलो मुखेल भेद तांच्यामदल्या दीर्घत्व वा लघुत्वाचेर निंबून नासता.
(A) (१) आनी (४) ही वाक्यां बरोबर आसात.
(B) (२) आनी (४) ही वाक्यां बरोबर आसात.
(C) (३) आनी (२) ही वाक्यां बरोबर आसात.
(D) (४) आनी (३) ही वाक्यां बरोबर आसात.

14. साहित्यकृती आनी तांतली पात्रां हांच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

| | |
|---|---|
| १. पाशाण कळी | ५. शान्ती |
| २. मीरा | ६. अनुष्का |
| ३. देमांद | ७. कर्मावती |
| ४. वादळ आनी वारें | ८. जयवंत |
| | ९. जनाप्पा |

(A) १-५ २-९ ३-६ ४-७
(B) १-६ २-७ ३-८ ४-५
(C) १-९ २-८ ३-६ ४-५
(D) १-७ २-५ ३-८ ४-७

15. हांतलें खंयचें विधान बेंजामीन ली वोर्फ हांचे आसा ?
(A) ‘भासूच आमगेली जिणेदिश्ट घडयता’
(B) ‘भास हो फकत वेगळेपणाच्या भांडवलाचेर उबो आशिल्लो संवसार’
(C) ‘भाशेच्या व्याकरणीक गिन्याना वांगडा भाशेच्या वापराचें गिन्यानूय आसप गरजेचें’
(D) ‘सैन्स’ आनी ‘रॅफरन्स’ हांतूत मुळावो भेद आसा.

**16.** उजवाडावणेच्या वर्साप्रमाण सकयल दिल्या नेमाळ्यांचो योग्य तो क्रम खंयचो ?

(A) प्राचीप्रभा, नवयूग, नवें गोंय, सारस्वत, मीर्ग.

(B) प्राचीप्रभा, सारस्वत, नवयूग, मीर्ग, नवें गोंय.

(C) सारस्वत, प्राचीप्रभा, मीर्ग, नवयूग, नवें गोंय.

(D) नवें गोंय, प्राचीप्रभा, सारस्वत, मीर्ग, नवयूग

**17.** "चडट्यो देंवत्यो, अखंड भोंवड्यो पैस पैस तड धांवता वांट कुळ्या संवसाराचो हो चक्रव्यूह खंय फुट्टा ?" ह्यो वळी हांतल्या खंयच्या कवीच्यो ?

(A) पांडुरंग भांगी

(B) नागेश करमली

(C) विजयाबाय सरमळकार

(D) कवी अभिजित

**18.** 'ट' हें व्यंजन खंयच्या प्रकारांतलें ?

(A) दांत ताळ्यो

(B) ताळ्यो

(C) ओंठ्यो

(D) दांतयो

**19.** कार्ल मार्क्स हाने साहित्याचो अभ्यास कशेतरेन जाना अशें सांगलें ?

(A) भासविज्ञानिक नदरेन.

(B) तुलनात्मक भासविज्ञानिक नदरेन.

(C) इतिहासिक समीक्षा पद्धतीन.

(D) समाजिक नदरेन.

**20.** हांतूतलें खंयचें उत्तर शुद्धलेखनाच्या नदरेन बरोबर आसा ?

(A) दुबाव

(B) दुभाव

(C) दूभाव

(D) दूबाव

**21.** सकयल दिलल्या निबंदकारांच्यो आनी तांच्या निबंदाच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

| | |
|---|---|
| १. तीन थेंबे | ५. नीळकंठ धुमे |
| २. पदेर | ६. रविंद्र केळेकार |
| ३. व्होंवळो | ७. दत्ताराम सुखठणकार |
| ४. बल्कांव | ८. लुसियो रोड्रिगिस |
| | ९. मुकेश थळी |

(A) १-८ २-७ ३-६ ४-५

(B) १-९ २-५ ३-७ ४-६

(C) १-६ २-८ ३-७ ४-५

(D) १-८ २-७ ३-६ ४-५

**22.** हांतुतलो शब्दालंकार खंयचो तें सांगात.

(A) उपमा (B) उत्प्रेक्षा

(C) दृष्टान्त (D) यमक

**23.** हांतुतली खंयची रचना कथाझेलो न्हय तें सांगात.

(A) कांदळां (B) श्रीनिवास

(C) खांवटें (D) मुठ्य

**24.** 'नीलकमल' ह्या शब्दाचो समास वळखात.

(A) तत्पुरुष समास

(B) कर्मधारय समास

(C) द्विगु समास

(D) द्वंद्व समास

**25.** कृती आनी कृतीकाराच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

| | |
|---|---|
| १. रसगंगाधर | ५. क्षेमेंद्र |
| २. औचित्यविचार चर्चा | ६. जगन्नाथ |
| ३. काव्यादर्श | ७. रुद्रट |
| ४. काव्यालंकार | ८. दण्डी |
| | ९. कुंतक |

(A) १-९ २-५ ३-८ ४-७

(B) १-८ २-६ ३-९ ४-७

(C) १-८ २-९ ३-६ ४-५

(D) १-६ २-५ ३-८ ४-७

**26.** योग्य पर्याय वेंचून वाक्य पुराय करात.
विसर्गात स्वर वा व्यंजन भरसून जाल्ले संधीक __

(A) विसर्गसंधी म्हणटात.

(B) व्यंजनसंधी म्हणटात.

(C) स्वरसंधी म्हणटात.

(D) संधी म्हणटात.

**27.** ओ.जे.एफ्. गॉमिश हांणी खंयचो साहित्यकृती कोंकणीत अणकारित करुन हाडली ?

(A) वासवदत्ता (B) रघुवंश

(C) संशयकल्लोळ (D) मेघदूत

**28.** तोंडातल्यान भायर सरिल्ल्या आनी जांचो भाशेंत वापर जाता अशा ध्वनींक _______

(A) रुपीन म्हणटात. (B) स्वन म्हणटात.

(C) नाद म्हणटात. (D) स्वर म्हणटात.

**29.** 'पाकीट' हें उत्तर खंयच्या मूळ भाशेंतले आसा ?

(A) पुर्तुगेज (B) फारसी

(C) इंग्लीश (D) अरबी

**30.** योग्य पर्याय वेंचून वाक्य पूर्ण करात.
ज्या भासांतल्या उत्तरांची बांदावळ व्याकरणाचे नदरेन भरीव आसता _____

(A) तांची वाक्याची बांदावळ व्याकरणाचे नदरेन ल्हव आसता.

(B) आनी ती खऱ्या अर्थान पूर्ण भास जाता.

(C) तेन्ना खऱ्या अर्थान ती संपर्क भास जाता.

(D) तिचो विस्तार उतरावळीचे नदरेन विशाल जाता.

**31.** वाक्यप्रचारांच्यो आनी तांच्या फावत्या अर्थाच्यो जोड्यो लायात.

| | |
|---|---|
| १. दोळे उगडप | ५. फटीची सानुभूती दाखोवप. |
| २. घाण्याचो बैल जावप | ६. कशेय तरेन उलोवप. |
| ३. जीबेक हाड नासप | ७. खूब परिश्रम करप. |
| ४. मानग्याची दुकां काडप. | ८. सत्यतायेची जाणविकाय जावप. |
| | ९. पळोवंक नाशिल्लेभरोन करप. |

(A) १-९ २-५ ३-७ ४-८

(B) १-८ २-५ ३-९ ४-६

(C) १-८ २-७ ३-६ ४-५

(D) १-७ २-६ ३-५ ४-८

**32.** 'देवकापसाची वात' ह्या पुस्तकाचो बरोवपी कोण ?

(A) जयंती नायक

(B) सुमेधा देसाय

(C) कस्तुरी देसाय

(D) जयमाला दणायत

**33.** हांतलें खंयचें वाक्य बरोबर आसा ?

(A) संदीस्वरान सोंपिल्ल्या उत्तरांनी संदीस्वराआदल्या अक्षराचेर अनुस्वार दितात.

(B) संदीस्वरान सोंपिल्ल्या उतरांनी संदीस्वरातल्या पयल्या स्वराचेर अनुस्वार दिवचो.

(C) कोंकणी बरपांतलो अनुस्वार नाकयो स्वर दाखयता पुण नाकयें व्यंजन दाखयना.

(D) पुल्लिंगी आनी अलिंगी नामाक सामान्य रूपांत कूस लागना.

**34.** साहित्यकृती, बरोवपी आनी साहित्यप्रकार हांच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

| | | |
|---|---|---|
| (अ) चैत्रांगण | (क) गोकुळदास मुळवी | (च) कादंबरी |
| (आ)निबंधमाळ | (ख) अच्युत तोटेकार | (छ) निबंध झेलो |
| (इ) गोमती | (ग) डॉ. श्री शं. फडके | (ज) कथाझेलो |
| (ई) मूळ पुरुश | (घ) नारायण वादोळकार | (झ) नाटक |
| | (ङ) रविंद्र केळेकार | (ञ) एकांकी झेलो. |

(A) अ-ख-ज, आ-क-झ, इ-ङ-च, ई-घ-ञ

(B) अ-ख-ज, आ-ग-छ, इ-घ-च, ई-क-झ

(C) अ-ग-ज, आ-ख-छ, इ-ङ-झ, ई-घ-झ

(D) अ-क-ज, आ-क-छ, इ-ङ-झ, ई-घ-ञ

**35.** जे.पी. सौझालीन हांचे दुसरें नांव खंयचें ?

(A) एफ्. मॅजिकवाला

(B) जुझे पाश्कोल

(C) आलेशान द् कांदोली

(D) मिगेल रॉड

**36.** स्थापणुकेच्या वर्साक धरुन सकयल्या संस्थांचो योग्य क्रम खंयचो.

(A) कोंकणी भाशा मंडळ, गोवा कोंकणी अकादमी, कोंकणी परिशद, अस्मिताय प्रतिष्ठान.

(B) अस्मिताय प्रतिष्ठान, कोंकणी भाशा मंडळ, गोवा कोंकणी अकादमी, कोंकणी प्रतिष्ठान.

(C) कोंकणी परिशद, कोंकणी भाशा मंडळ, गोवा कोंकणी अकादमी, अस्मिताय प्रतिष्ठान.

(D) अस्मिताय प्रतिष्ठान, कोंकणी परिशद, कोंकणी भाशा मंडळ, गोवा कोंकणी अकादमी

**37.** 'भारतीय भाषा संस्थान' हे मैसूरचे संस्थेन 'भाषा भारती सन्मान' हांतल्या कोणाक भेट्यलो ?

(A) रॉकी मिरांडा

(B) पुंडलीक नायक

(C) रविंद्र केळेकार

(D) बस्ती वामन शणय.

**38.** 'कट्टें' ह्या निबंदाचो रचणार हांतलो कोण ?

(A) बाकीबाब बोरकार

(B) दत्ताराम सुखटणकार

(C) लक्ष्मणराव सरदेसाय

(D) अना म्हाबंरो

**39.** सकयल्या विधानांचे योग्य ते पर्याय वेंचून काडात.

(i) 'गोठलां' हो विजयाबाय सरमळकार हांचो पयलो झेलो.

(ii) 'ओ जॉनी' ही अरुण हेबळेकार हांची कोंकणी नवलिका.

(A) (i) बरोबर आनी (ii) बरोबर

(B) (i) बरोबर आनी (ii) चूक

(C) (i) चूक आनी (ii) बरोबर

(D) (i) आनी (ii) चूक

**40.** नाटक आनी तांतली पात्रां हांच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

| | |
|---|---|
| १. ताची करामत | ५. बाबगो |
| २. गजालीचें नाटक | ६. शाणेबाब |
| ३. आत्मवंचना | ७. सुकडूबाब |
| ४. निमित्ताक कारण | ८. रुक्मिण |
| | ९. म्हाळू बाब |

(A) १-९ २-५ ३-८ ४-७

(B) १-६ २-८ ३-७ ४-९

(C) १-९ २-६ ३-८ ४-७

(D) १-९ २-६ ३-७ ४-५

**41.** 'रती' ह्या स्थायी भावाचो मुळावो रस खंयचो ?

(A) उत्साह (B) हास्य

(C) शृंगार (D) वत्सल

**42.** "शब्दार्थौ सहितौ काव्यम्" हें काव्यलक्षण हांतल्या कोणाचें ?

(A) भामह (B) वामन

(C) कुंतक (D) आनंदवर्धन

**43.** अस्तमतेकडल्या काव्य-समिक्षेविशीं बरयलेलो 'रिपब्लिक' हो ग्रंथ हांतल्या कोणाचो ?

(A) ॲरिस्टॉटल (B) हॉरेस

(C) प्लॅटो (D) लोंजिनस

**44.** माधुर्य हो एक _______ जावन आसा.

(A) अलंकार (B) काव्यगुण

(C) लक्षणा (D) काव्यदोश

**45.** इ.स. १४७४ म्हळ्यार १५ व्या शतमानांतलो फातरपटो हांतल्या खंयच्या सुवातीचेर मेळिल्लो अशें मानतात ?

(A) फोंड्या - फोंड्याचो फातरपटो.

(B) नागेशी - नागेशीचो फातरपटो.

(C) हरवळ्यां - हरवळेचो फातरपटो

(D) वेऱ्यां - वेरें, बारदेसाचो फातरपटो.

सकयल दिल्लो उतारो वाचून ते उपरांत दिलल्या प्रस्नांच्यो जापो बरोवंच्यो.

गेल्या पन्नास वर्सा सावन आजपर्यंत जो एकात्मतेचो अर्थ संकुचीत अर्थान चलत आयला, तो तसोच उलयत रावप हें बराबर न्हय. आयच्या भारताच्या लोकांच्या विचारांप्रमाण ते एकात्मतेंत अनेकात्मकता नासत तर आमी वस्तुनिश्ट विचार करतात अशें जावचें ना तशें जाल्यार राष्ट्रीय एकात्मता दोरी बांदिल्ल्या पतंगा सारकी परतंत्र उरतली आनी देशाचें साध्य पयस उरतलें. आमची समाजीक जीण ही ह्या भारतांत तरी भरसल्लीच आसा. साहित्याची निर्मणी ते भाशेपुरती अशी कशीच आसूंक नज. स्वातंत्र्य-झगड्याच्या काळांत हाचेर चड विचार कोणें केलो ना.जी एकात्मता आमी सांस्कृतीक मूल्ल्यांनी सांबाळून दवरल्या. ते एकात्मतेच्या पोटांतलो अनेकात्मतेचो आविश्कार नाच अशें समजून चलप हें बराबर न्हय.

राष्ट्रीय एकात्मतेचो विचार चड समजिकायेन करुंक जाय. वेगवेगळ्या प्रदेशांची भाशीक, वांशीक आनी समुहांची अस्मिताय कायमची मान्य करुनय, ताका मानान पोटांत घेवन आमी आमची राष्ट्रीय एकात्मता उबी दवरुंक शिकूंक जाय. नव्या साहित्याची निर्मणी करतना हें वयर सांगिल्लें रूप खंयचेय भाशेंत आयल्यार तें योग्यच आसा अशें दिसूंक जाय. ही अनेकात्मता सामाजीक जीवनांत हिंसेन जगपाक लायणारी अशी न्हय; तर, ते अनेकात्मतेंत प्रांतीय अल्पसंख्य गटाक स्वशक्तीन भाग घेवपाक मेळचें आनी परकेपण जाणवंनये. आपल्या प्रदेशापुरतें पळोवप, आनी दुसऱ्यांलो दोश दाखोवन तांकां उणें लेखप हें आसूंक फावना. भारतीय संघराजाची आमुच्या फुडाऱ्यांची कल्पना अशीच आशिल्ली. साहित्यिकांनी खंयच्चाय प्रदेशाचो संवेदना-भंग करुन वेगळेचाराचें प्रदर्शन करनये. मागीर ती भास खंयचीय जावं, भारतांत अशीं सांस्कृतिक अनेकात्मता पचोवपाची संवय दीर्घ काळाची आसा.

**46.** देशाचे एकात्मतेचें साध्य पयस कित्याक उरतलें ?

(A) एकात्मतेंत अनेकात्मता नासत जाल्यार.

(B) राष्ट्रीय एकात्मता परतंत्र आसली जाल्यार.

(C) आमीं वस्तुनिश्ट विचार केलो जाल्यार.

(D) एकात्मतेचो अर्थ संकुचित अर्थान उलयत रावत जाल्यार.

**47.** भारतीय संघराज्याविशीं फुडाऱ्यांची कल्पना खंयची आशिल्ली ?

(A) भाशीक प्रांतवार रचना केल्यार देशाक वायट पडतले.

(B) अनेकात्मतायेत अल्पसंख्यांकाश्रय स्वराक्तीन भाग घेवपाक मेळचो.

(C) एकात्मतेच्या पोटांत अनेकात्मतायेचो विचार ना अशें समजप.

(D) सामाजीक जीवनांत हिंसेन जगल्यार परकेपण जाणवं नये.

**48.** आपल्या प्रदेशापुरते पळोवप बरोबर न्हय कारण ___

(A) ताणे राष्ट्रीय एकात्मतेचो विचार चड समजिकायेन जायना.

(B) राष्ट्रीय एकात्मतेचो विचार चड प्रमाणांत जाता.

(C) भाशीक, वांशिक अस्मिताय ताकालागून चड फळटा.

(D) नव साहित्याची निर्मणी ताका लागून खंडित जाता.

**49.** साहित्यिकांनी किदें करपाक जायना ?

(A) हिंसेन जगपाक जायना.

(B) खंयच्याय प्रदेशाचो संवेदना-भंग करुन वेगळेचाराचे प्रदर्शन करपाक जायना.

(C) साहित्याची निर्मणी ते भाशेपुरतीच दवरप.

(D) राष्ट्रीय एकात्मतेचो वितार चड समजिकायेन करप.

**50.** उताऱ्याचो योग्य माथाळो खंयचो ?

(A) अनेकात्मतेचो स्वीकार

(B) अनेकात्मतेचें म्हत्त्व

(C) अनेकात्मतेंतल्यान एकात्मता

(D) अनेकात्मता आनी एकात्मता

**Space For Rough Work**